राष्ट्रीय खबरो 06.11.2025 @ 8.40 am

**मुखेल खबरो**

- बिहारांत पयल्या पावडया वेळी विधानसभा वेंचणूक आयज जाता.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां नवी दिल्लींत 'वंदे मातरम' ह्या राष्ट्रगीताच्या देडशाव्या वर्साच्या उगडासाक वर्सभर चलपी सुवाळ्याचें उक्तावण करतले
- पाकिस्तानान सततचे  शत्रुत्व आणि सीमापार दहशतवादा वरवी  सिंधू उदक कबलातीची भावना कमकुवत केल्या अशे कामगार आणि रोजगार मंत्री डॉ. मनसुख माडवीय हाणी म्हणले
- त्रेप्पानाव्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव (IFFI) खातीर मीडिया मान्यताय मेळोवपाची निमणी तारीख १० नोव्हेंबर मेरेन वाडयल्या.

बिहार 125

बिहारांत पयल्या पावडया वेळी विधानसभा वेंचणूक आयज जाता. ह्या टप्प्यांत 18 जिल्ह्यांतल्या 121 मतदारसंघांनी मतदान जातलें. तातूंत पाटना, वैशाली, नालंदा, भोजपूर, मुंगेर, सारण, सिवान, बेगूसराय, लखीसराय, गोपाळ/गंज, मुजफ्फरपूर, दरभंगा, मधेपुरा, सहरसा हांचो आस्पाव जाता. सकाळीं 7 वरांचेर मतदान सुरू जालें आनी सांजवेळा 6 मेरेन मतदान चालू आसतलें. पूण सुरक्षा कारणांक लागून सिमरी बख्तियारपूर, महिशी, तारापूर, मुंगेर, जमालपूर आनी सूर्यगढ विधानसभा मतदारसंघांतल्या छपपन मतदान केंद्रांनी सांजवेळा 5 वरांचेर मतदान सोंपतलें. मुक्त, निष्पक्ष आनी शांततायेन मतदान जावचें हे खातीर कडक सुरक्षा वेवस्था केल्या. सगल्या मतदान केंद्रांचेर राज्य पुलीस सयत केंद्रीय सशस्त्र पुलीस दळांची नेमणूक केल्या. बायलां सशक्तीकरणाक चालना दिवपा खातीर 926 बायलां वेवस्थापन केल्ले बूथ आनी दिव्यांजन (खास करून शारिरीक दिष्ट्या आशिल्ले) खातीर 107 बूथ स्थापन केल्यात.तशेच कागाळी नोंद करपाक पाटणाच्या मुखेल वेंचणूक अधिकाऱ्याच्या कार्यालयांत खाशेलो नियंत्रण कक्ष स्थापन केला.

मोदी 65

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां नवी दिल्लींत ‘वंदे मातरम’ ह्या राष्ट्रगीताच्या देडशाव्या वर्साच्या उगडासाक वर्सभर चलपी सुवाळ्याचें उक्तावण करतले. सांस्कृतिक मंत्रालय राष्ट्र गीताच्या देडशाव्या वर्षपूर्तीच्या उक्तावण समारंभाचे आयोजन करता. फुडल्या वर्सा 7 नोव्हेंबर मेरेन वर्सभर चलपी देशभरांतल्या यादस्तीक सुवाळ्याची औपचारीक सुरवात फाल्यां सावन जातली. ह्या वर्सभराच्या यादस्तीक कार्यावळीत भारताच्या स्वातंत्र्य चळवळीक प्रेरणा दिवपी आनी राश्ट्रीय अभिमान आनी एकचार निर्माण करपी हे कालातीत रचनेची देडशे  वर्सां पुराय जाल्ल्या.

अमूल 55

संवसारीक सहकार क्रमवारींत पयलें आनी दुसरें स्थान मेळयल्या खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भारतांतली  मुखेल सहकारी संस्था अमुल आनी इफ्फको हांकां परबीं दिल्या. सोशल मिडिया पोस्टांत मोदी हांणी भारतांतलो सहकारी क्षेत्र उत्साही आसा आनी जायत्या जाणांच्या जिवितांत परिवर्तन घडोवन हाडटा अशें सांगलें. फुडल्या दिसांनी ह्या क्षेत्राक आनीक चालना दिवपा खातीर सरकार जायतीं पावलां उबारता अशेंय तांणी सांगलें.

जयशंकर 30

परराष्ट्र  मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी भारत-जपान भागीदारी इंडो-पॅसिफिकात धोरणात्मक स्थिरताय वाडोवपाक योगदान दिता अशें म्हणला. नवी दिल्लीतील जाल्या ८ व्या भारत-जपान इंडो-पॅसिफिक मंचात ते उलयतले (byte)

नौदल 50

भारतीय नौदल आयज कोच्चींतल्या नौदल तळाचेर इक्षक जहाजाक औपचारीक/पणान सेवेत दाखल करतलें. नौदलाचे मुखेल एडमिरल दिनेश के. त्रिपाठी हांच्या  उपस्थितीत हो कमिशनिंग समारंभ जातलो.  इक्षक हे  सर्वेक्षण

जहाज वर्गांतलें तिसरें आनी दक्षिण नौदल कमांडांत तैनात जाल्लें पयलें तारु आसतलें, जाका लागून भारतीय नौदळाची हायड्रोग्राफिक सर्वेक्षण क्षमता वाडटली अशी म्हायती संरक्षण मंत्रालयान दिल्या.

क्रिकेट टीम 60

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी यांनी लोक कल्याण मार्ग हांगा त्यांच्या निवासस्थानी बायला विश्वचषक विजेत्यांचे स्वागत केले. मोदीं हाणी बायला क्रिकेट संघाचे त्यांच्या विजयाबद्दल अभिनंदन केले आणि सलग तीन पराभवां उपरांत स्पर्धेत त्यांच्या उल्लेखनीय पुनरागमनाचे कौतुक केले. भेटी वेळार, कर्णधार हरमनप्रीत कौर हीणे 2017 वर्सा मोदींक मेळील्याचो उगडास काडलो जेन्ना तांचेकडे टॉफी नाशिल्ली.त्यांनी आशा व्यक्त केली की ती तांका अशीच ट्रॉफीसयत अधिक वेळा मेळटली.

ह्यो खबरो  तुमी आकाशवाणी पणजी केंद्रावेल्यान आयकतात

आता मुखावेल्यो खबरो

मनसुख 130

पाकिस्तानान सततचे  शत्रुत्व आणि सीमापार दहशतवादा वरवी  सिंधू उदक कबलातीची भावना कमकुवत केल्या अशे कामगार आणि रोजगार मंत्री डॉ. मनसुख माडवीय हाणी म्हणले आनी  शेजारी देशान भारताच्या कायदेशीर प्रकल्पांक आडमेळी हाडपाक कबलात यंत्रणेचो परत परत गैरवापर केला हाचेर भर दिलो.

दोहात जाल्या दुसऱ्या जागतिक सामाजिक विकास शिखर परिषदेच्या पूराय सत्रात भारताचे राष्ट्रीय निवेदन दितना, मांडविया यांनी काल पाकिस्तानच्या राष्ट्रपतींनी त्यांच्या वक्तव्यात भारताबद्दल केल्या काय अन्याय/कारक  संदर्भांर तीव्र आक्षेप घेतलो. त्यांनी भारताविरुद्ध चुकीची माहिती पसरावन सामाजिक विकासार लक्ष केंद्रित करपा पासून जगाचे लक्ष विचलित करपाक आंतरराष्ट्रीय व्यासपीठाचो गैरवापर केल्याचे ताणी म्हणले. पाकिस्तानाक देशाच्या अंतर्गत बाबींचेर भाष्य करपाचो  कसलोच अधिकार ना विशेषतः जेन्ना ते भारतीय नागरिकां आड सीमापार दहशतवादाच्या कृत्यांमदी सहभागी आसात अशे माडवीय उलयले. पाकिस्तानान  आत्म/परीक्षण करचे आणि जाका ते आंतरराष्ट्रीय समुदायाच्या मदतीर अवलंबून आसात त्या विकासाकडे संबंधित स्वतःच्या गंभीर आव्हानांक तोंड दिवचे अशेय ताणी म्हणले

इफ्फी 140

त्रेप्पानाव्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव (IFFI) खातीर मीडिया मान्यताय मेळोवपाची निमणी तारीख १० नोव्हेंबर मेरेन वाडयल्या. ज्या पत्रकारांनी अजुन त्यांचे अर्ज पूराय करूंक ना तांका आता त्या-खातीर अतिरिक्त वेळ दिला . मान्यताप्राप्त माध्यम प्रतिनिधींक चित्रपट प्रदर्शन, मास्टरक्लास, पॅनेल चर्चा आणि पत्रकार परिषदांसयत विशेष महोत्सव कार्यक्रमांनी प्रवेश मेळटलो. हो महोत्सव २० ते २८ नोव्हेंबर मजगती पणजी गोयात  आयोजित केला. ते शिवाय , भारतीय चित्रपट आणि दूरदर्शन संस्था १८ नोव्हेंबराक  प्रेस इन्फॉर्मेशन ब्युरोच्या सहकार्यान पणजीत मान्यता/प्राप्त पत्रकारा खातीर चित्रपट प्रशंसा अभ्यासक्रम आयोजित करतली. पयली येवपी पयली प्राधान्य या तत्वार मान्यता/प्राप्त माध्यम प्रतिनिधीं वाटेकार जावंक शकतले. ज्या पत्रकारांनी पयलीच IFFI २०२५ मीडिया मान्यताये खातीर अर्ज केला  त्यांका रोखडेच कळयतले. मदती खातीर पत्रकार,PIB IFFI मीडियाम सपोर्ट डेस्ककडे संपर्क साधू शकतात IFFI हो आशियातले चित्रपटसृष्टीचो प्रमुख उत्सव आसा, जो दरवर्सा गोयात हजारांनी चित्रपट व्यावसायिक आणि उत्साही लोकांक एकठांय हाडटा.

55

लोकसभेंचे विरोधी पक्ष फुडारी राहुल गांधी हाणी हरियाणा विधानसभा वेंचणुकेंत व्हड प्रमाणांत फटवणूक जाल्ल्याचो आरोप करून भारतीय जनता पक्ष आनी वेंचणूक आयोगाचेर खर टिका केल्ली. हाचेर जाप दितना भाजपाचे वरीष्ठ  फुडारी आनी केंद्रीय मंत्री किरेन रिजिजू हाणी काँग्रेस फुडारी राहुल गांधी हांच्या निवेदनाचेर टिका केल्या. **(byte)**

वेदर 55

भारतिय हवामान खात्यान आयज तमिळनाडू आनी कराईकलांतल्या कांय सुवातींनी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास काडला. फाल्यां मेरेन कर्नाटक, रायलासीमा आनी पुडुचेरींत वीजे सयत गडगड येवपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. फुडल्या 2 दिसांत वायव्य भारतांत उण्यांत उणें तापमान 3 ते 5 अंश आनी मध्य भारतांत 2 ते 4 अंश देंवपाची शक्यताय आसा असो अदमास हवामान खात्यान दिला.

क्रीकेट

दादल्यांच्या क्रिकेटांत भारत आनी ऑस्ट्रेलिये हांचे मदल्या पांच मॅचींच्या मालिकेची चवथी टी-20 आंतरराष्ट्रीय सर्त आयज ऑस्ट्रेलियांतल्या क्वीन्सलँडांतल्या कॅरारा ओव्हलांत जातली. मॅच, पावणे-दोनाक  सुरू जातली. सध्या HOBARTआंत जाल्ल्या तिसऱ्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत भारतान ऑस्ट्रेलियेक पांच विकेटींनी हारयल्या उपरांत ही मालिका 1-1 अशी बरोबरीत आसा.

**आता खबरो सोपोवचे पायली परत एक फावट काय मुखेल खबरो**

- बिहारांत पयल्या पावडया वेली विधानसभा वेंचणूक आयज जाता.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां नवी दिल्लींत ‘वंदे मातरम’ ह्या राष्ट्रगीताच्या देडशाव्या वर्साच्या उगडासाक वर्सभर चलपी सुवाळ्याचें उक्तावण करतले
- पाकिस्तानान सततचे शत्रुत्व आणि सीमापार दहशतवादा वरवी सिंधू उदक कबलातीची भावना कमकुवत केल्या अशे कामगार आणि रोजगार मंत्री डॉ. मनसुख माडवीय हाणी म्हणले
- त्रेप्पानाव्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव (IFFI) खातीर मीडिया मान्यताय मेळोवपाची निमणी तारीख १० नोव्हेंबर मेरेन वाडयल्या.

----------